राजश्री कामत  राष्ट्रीय खबरो  20.०३.२०२६ @ 8.40 am

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हाणी काल उत्तर प्रदेशातल्या वृंदावन हांगा प्रेम मंदिर आणि इस्कॉन मंदिराक भेट दिवन आरती केली.

उपराष्ट्रपती सी. पी. राधाकृष्णन हांणी बाल शिक्षणाच्या महत्त्वाचेर भर दिला

आखाती वाठारांतल्या उर्जा प्रकल्पांचेर हालींच जाल्ल्या हल्ल्याचेर भारतान हुस्को उक्तायला आनी तांकां खर चिंतेचे अशें म्हणलां.

फोर्ब्स वर्ल्ड'स बिलियनेर्स २०२६ च्या वळेरेत २६ नव्या भारतीयांनी पदार्पण केलां

भारताचो भूपथिराजू अनमीश वर्मा हाणें 'सात ज्वालामुखी शिखर' Seven Volcanic Summits सर करपा खातीर सगळ्यांत कमी वेळे नोंदवन ' गिनीज वर्ल्ड रेकॉर्डांत सुवात मेळयल्या.

मुर्मू 130

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हाणी काल उत्तर प्रदेशातल्या वृंदावन हांगा प्रेम मंदिर आणि इस्कॉन मंदिराक भेट दिवन आरती केली. उत्तर प्रदेशची राज्यपाल आनंदीबेन पटेल हाणीय या आरतीक हजेरी लायली. राष्ट्रपती काल सावन तीन दिसांच्या उत्तर प्रदेश दौऱ्यार आसात. सकाळी, राष्ट्रपती मुर्मूनी अयोध्येत श्री राम जन्मभूमी मंदिराक भेट दिली. त्यांनी राम जन्मभूमी मंदिरातल्या वेगवेगळ्या सुवातांनी  दर्शन घेतले आनी आरती केली आणि श्री राम यंत्र स्थापना कार्यक्रमात भाग घेतलो.  या वेळार उलयताना राष्ट्रपतीनी म्हणले की, देश एका सर्वसमावेशक समाजाच्या आणि विकसित राष्ट्राच्या निर्मितीच्या दिशेन प्रगती करता. त्यांनी विश्वास व्यक्त केलो की, प्रभू रामाच्या आशीर्वादान देश २०४७ मेरेन ही उद्दिष्ट्या साध्य करतलो. राष्ट्रपती आज वृंदावन हांगा रामकृष्ण मिशन सेवा/श्रमाच्या नंद किशोर सोमानी ऑन्कोलॉजी ब्लॉकाचे उक्तावण करतली. ती उडिया बाबा आश्रम **आणि दावनल** कुंड

हांगाय भेट दितली आनी नीब करोरी बाबांच्या समाधीकुय भेट दिवन फुलाहार अर्पण करतली

VP 80

उपराष्ट्रपती सी. पी. राधाकृष्णन हांणी बाल शिक्षणाच्या महत्त्वाचेर भर दिला आणि ल्हान वयातच भुरग्यांक जबाबदार आनी सक्षम व्यक्ती म्हणून घडोवप महत्त्वाचे आसता अशे म्हणला. नवी दिल्लीत एका शाळेच्या भांगरा महोत्सवी इमारतीचे उक्तावण करताना ते उलयताले. बऱ्यो व्यक्ती बरो समाज घडयतात आणि त्यातून एक महान राष्ट्र घडता. शिक्षकांच्या महत्त्वपूर्ण भूमिकेर भर दित उपराष्ट्रपतीनी म्हणले की, विद्यार्थ्यांचे चारित्र्य आणि आत्मविश्वास घडोवपाक शिक्षक महत्त्वाची भूमिका निभायतात आणि समाजा खातीर त्यांचे योगदान अमूल्य आसा. त्यांनी शाळेतले शिक्षक आणि कर्मचाऱ्यांच्या समर्पणाची आणि प्रयत्नांची तोखणाय केली आणि तांका संस्थेच्या येसाची बुन्याद म्हणले

गोयल 110

वाणिज्य आणि उद्योग मंत्री पियुष गोयल यांनी यूकेचे खासदार आणि यूके संसदीय व्यवसाय आणि व्यापार निवड समितीचे अध्यक्ष लियाम बायर्नच्या फुडारपणाखाला यूकेच्या खासदारांच्या शिष्टमंडळाची भेट घेतली. एका सोशल मीडिया पोस्टात गोयल हांणी सांगले की, त्यांनी आर्थिक वाढ, शाश्वत विकास आणि नवोन्मेष हाचेर लक्ष केंद्रित करून भारत-यूके संबंध मुखार व्हरपाचेर  चर्चा केली. या भागीदारी न दो नुय राष्ट्रां खातीर नवीन संधी निर्माण जातली अशी आशा त्यांनी व्यक्त केली. दुसऱ्या एका बसकेत, गोयल यांनी अमेरिकन इंटेलेक्चुअल प्रॉपर्टी लॉ असोसिएशनचे अध्यक्ष साल्वाटोर अनास्तासीच्या  फुडारपणाखाला शिष्टमंडळाची भेट घेतली. त्यांनी सांगले की, देशाची जागतिक स्पर्धात्मकता अधिक घटपुट करपाक भारताची बौद्धिक संपदा कायदे मुखार व्हरप,जागतिक स्तरावर

समन्वय साधप, नवोन्मे शाक प्रोत्साहन दिवप आणि व्यवसाय सुलभता वा डोवप हाचेर चर्चा जाली.

इंदिरा 70

प्रधान मत्री नरेंद्र मोदीनी नवी दिल्लीत इंदिरा गांधी राष्ट्रीय कला केंद्राच्या विश्वस्तांची भेट घेतली आणि देशाच्या विंगड विंगड संस्कृतीक अधिक लोकप्रिय करपा संबंधीच्या वेगवेगळ्या तासांचेर चर्चा केली. एका सोशल मीडिया पोस्टात मोदीनी म्हणले की, या प्रवासात अधिक लोकांक सामील करून घेवप, डिजिटल आणि तळागाळात उपक्रमां वरवी पावप घटमुट करप आणि देशाचे समृद्ध दायज जतन आनी संवर्धन करपाक कलाकारांक आणि विद्वानांक तेको दिवपाच्या मार्गांचोय ताणी सोध घेतलो

रणधीर100

आखाती वाठारांतल्या उर्जा प्रकल्पांचेर हालींच जाल्ल्या हल्ल्याचेर भारतान हुस्को उक्तायला आनी तांकां खर चिंतेचे अशें म्हणलां. आखाती वाठारांतल्या उर्जा मुळाव्या साधनसुविधांचेर जाल्ल्या हल्ल्या विशीं प्रसार माध्यमांनी केल्ल्या प्रस्नांक जाप दितना परराश्ट्र मंत्रालयाचे प्रवक्ते रणधीर जायसवाल हांणी सांगलें,कि ह्या हल्ल्यांक लागून आदींच अनिश्चीत आशिल्ली जागतीक उर्जा परिस्थिती आनीक अस्थीर जावपाचो धोको आसा. अशे हल्ले अस्वीकार्य आसात आनी ते थांबपाक जाय अशें जयसवाल हांणी सांगलें. नवी दिल्लींत प्रसार माध्यमांक म्हायती दितना परराश्ट्र मंत्रालयाच्या प्रवक्त्यान सांगलें,कि उर्जा पुरवण हो मुखेल हुस्को आसा आनी उदका येरादारी मार्गांचेरूय परिणाम जावपाक लागला. एलपीजीच्या उपलब्धतेचेर नदर दवरून आसात आनी सरकार देशी गिरायकांक प्राधान्य दिता

आनी उर्जा स्त्रोतांत विविधताय हाडपा खातीर सक्रीयपणान वावुरता अशें तांणी सांगलें.

मोदी 90

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी काल कतारचे अमीर शेख तमीम बिन हमद अल थानी हांचे कडेन फोनाचेर उलयतना तांकां आनी कतारांतल्या लोकांक ईद निमतान आपलीं परबीं भेटयली. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत प्रधानमंत्र्यान भारत कताराच्या वांगडा खंबीरपणान उबो आसा आनी ह्या वाठारांतल्या उर्जा मुळाव्या साधनसुविधांचेर जावपी हल्ल्याचो खर निशेध केला असो पुनरुच्चार केलो. भारतीय समुदायाची घेतील्ली जतनाय आनी दिल्या आदाराक लागून ताणी उपकार मानले, आनी ह्या वाठारांत शांतताय आनी स्थिरताय मेळटली अशी आस्त उक्तायली. भारत आनी कतार हे दोनूय देश 'स्ट्रेट ऑफ होर्मुझ' कडच्यान सुरक्षीत आनी मुक्त येरादारीच्या फाटबळांत खर उबे आसात अशे मोदिनी म्हणले

इसरो 60

एकात्मिक संरक्षण दळ मुख्यालय आनी इसरोच्या अंतरिक्ष अनुप्रयोग केंद्रान सशस्त्र दळां खातीर सद्याच्या उपग्रह आदारीत दूरसंचार नोड्सांची देखभाल आनी अतिरिक्त नोड्सांची तजवीज करपा खातीर समजीकायेच्या कबलातीचेर सय केल्या. एकात्मिक संरक्षण दळाचे उपमुखेली एअर मार्शल शंकर सुब्रमण्यम आनी अवकाश अनुप्रयोग केंद्राचे संचालक निलेश एम. देसाय हाणी सय केली. दोनूय वटांनी सद्याच्या टेलीमेडिसीन मुळाव्या साधनसुविधांचो नियाळ घेतलो आनी फुडले पिळगेंतल्या टेलीमेडिसीन नोड्सांच्या डिझायनाचेर विचार केला अशें संरक्षण मंत्रालयान सोशल मिडिया पोस्टांत सांगलां.

वेंचणुक 80

केरळांत जावपी विधानसभा वेंचणुके खातीर काँग्रेस पक्षान दुसरी उमेदवारांची वळेरी जाहीर केल्या, तातूंत 37 उमेदवारांक  उमेदवारी दिल्या . अरुविक्करा मतदारसंघांतल्यान काँग्रेसीचे  वरिश्ठ फुडारी व्ही.एस.शिवकुमार आनी नेमोम मतदारसंघांतल्यान आदलो आमदार के. एस. सबरिनाधन तशेंच त्रिक्करीपुर मतदारसंघांतले संदीप वॉरियर, कोचीचे मोहम्मद शियास, एट्टुमानूरांतले नट्टकॉम सुरेश आनी अरणमुला मतदारसंघांतले राज्य युवा काँग्रेसीचे सचीव अबीन वर्गीस हांचोय आस्पाव हे वळेरेंत आसा. हाचे आदीं पक्षान येवपी विधानसभा वेंचणुके खातीर 55 उमेदवारांक उमेदवारी दिली. केरळांत जावपी विधानसभा वेंचणुके खातीर फुडल्या म्हयन्याच्या 9 तारखेक मतदान जावपाचें आसा, जाल्यार मतांची मेजणी 4 मे दिसा जातली.

पॅन्टागन 120

इराणा आड झुजपा खातीर पॅन्टागन काँग्रेसी कडेन आनीक 200 अमेरिकन डॉलर्सच्या अतिरिक्त निधीची मागणी करता. खात्यान आपली विनंती व्हाइट हाऊसाक धाडल्या अशें प्रशासनाच्या वरिश्ठ अधिकाऱ्यान सांगलें. पत्रकार परिशदेंत हे रक्कमे विशीं विचारलें तेन्ना संरक्षण सचीव पीट हेगसेथान ह्या आंकड्याची थेट पुष्टी करूंक ना; ताचे बदला रक्कम बदलूं येता अशें तांणी सांगलें. ही व्हड रक्कम, आनी ही नवी विनंती फाटल्या वर्साच राष्ट्राध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्पाच्या व्हडल्या कर कपात विधेयकांतल्यान संरक्षण खात्याक मेळिल्ल्या अतिरिक्त निधी वांगडाच आसा. अशे विनंती खातीर काँग्रेसीची मान्यताय घेवची पडटली; पूण अशा खर्चाक राजकी आदार मेळटलो काय ना हें अजून स्पश्ट जावंक ना. राष्ट्राचें रिण विक्रमी 39 ट्रिलियन डॉलर वयर गेलां. अशा नव्या खर्चाची विनंती खातीर काँग्रेस स्वताक तयार करता; पूण व्हाइट हाउसान अधिकृतपणान ही विनंती काँग्रेसीक विचारा खातीर धाडल्या काय ना हें अजून स्पश्ट जावंक ना.

फोर्ब्स 130

फोर्ब्स वर्ल्ड'स बिलियनेर्स लिस्ट २०२६ जाहीर जाला, हातूंत भारताची कामगिरी खूब बळिश्ट आसा. ताका लागून भारताक अमेरिकेच्या आनी चीना उपरांत संवसारांतलो तिसरो क्रमांक मेळ्ळा. ह्या वळेरेंत २६ नव्या भारतीयांनी पदार्पण केलां आनी भारतांतल्या ह्या अब्जाधीश क्लबाच्या वांगड्यांची वट्ट संख्या २२९ जाल्या.ह्या वळेरेंत पावपी उद्देजक वेगवेगळ्या क्षेत्रांतले आनी पिळग्यांचें प्रतिनिधित्व करतात. हातूंत बजाज ऑटोचे आदले उपाध्यक्ष मधुर बजाज हाची घरकान  कुमुद बजाज 4.1 अब्ज डॉलर संपत्ती सयत पयल्या क्रमांकाचेर आसा. तिचे उपरांत चेन्नयांतल्या 'खजाना ज्वेलरीचे धनी आनी संचालक किशोर जैन 2.2 अब्ज डॉलर सयत दुसरे सुवातेर आसा जाल्यार परप्लेक्सिटी एआयचे  सहसंस्थापक अरविंद श्रीनिवास हाणी 2.1 अब्ज डॉलर संपत्ती सयत हे वळेरेंत प्रवेश केला. कांय मुखेल नांवां म्हळ्यार मॅकलियोड्स फार्मास्युटिकल्सची  अंजू अग्रवाल 1.9 अब्ज डॉलर; लॉरस लॅबाचे संस्थापक आनी सीईओ सत्यनारायण चाव आनी एमडीएचचे अध्यक्ष राजीव गुलाटी ह्या दोगांयचीय दरेकीं 1.5 अब्ज डॉलराची संपत्ती नोंद जाल्या

गिनीज 70

भारताचो भूपथिराजू अनमीश वर्मा हाणें 'सात ज्वालामुखी शिखर' Seven Volcanic Summits सर करपा खातीर सगळ्यांत कमी वेळे नोंदवन ' गिनीज वर्ल्ड रेकॉर्डांत सुवात मेळयल्या. आंध्र प्रदेशांतल्या विशाखापट्टणम हांगा रावपी अनमीश हाणें 6 फेब्रुवारी 2026 दिसा अधिकृतपणान प्रमाणीत केल्ल्या प्रमाण 92 दिसांनी, 4 वरां आनी 45 मिनटांनी सगली शिखरा चडलो. ऑक्टोबर 2024 दिसा रशियेंतल्या माउंट एल्ब्रसाचेर चडून ताणें आपली मोहीम सुरू केली आनी आपले सातवे  शिखर- अंटार्क्टिकांतल्या माउंट सिडेलीचेर-23 जानेवारी तो पावलो

स्पोर्ट्स 60

2028 वर्सा भारतांत पयलेच खेपे ओडिशाच्या भुवनेश्वरांतल्या कलिंगा स्टेडियम संकुलांतल्या अत्याधुनीक इनडोर सुविधेंत 'संवसारीक इनडोर एथलेटिक्स चॅम्पियनशीप' जातली. मजगतीं, आज पोलंडांतल्या 'टोरुन' शारांत 'संवसारीक इनडोर एथलेटिक्स चॅम्पियनशिप 2026' सुरू जाली

Weather 70

भारtiy हवामान खात्यान आयज उपहिमालयाच्या अस्तंत बंगाल आनी सिक्किमांत व्हड ते सामको व्हड पावस पडपाचो अदमास काडला. तशेंच हिमाचल प्रदेश आनी उत्तराखंडांत व्हड पावस पडपाचो अदमास आयएमडीन उक्तायला. हवामान एजन्सींतल्यान फुडें दिल्ली, हरियाणा, चंडीगढ, बिहार, झारखंड, मध्य प्रदेश, ओडिशा, पंजाब आनी उत्तर प्रदेश राज्यांनी गडगड आनी गार वादळाचो अदमास काडला. तशेंच दर्यादेगेवेल्या कर्नाटक, तमिळनाडू, पुडुचेरी, कराईकल, केरळ, माहे आनी देशाच्या ईशान्य वाठारांत गडगड आनी वीज पडपाचो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला.